# गोंय मुक्ती दीस सुवाळो

ता. 18 डिसेंबर 2018
27 मार्गशीर्ष 1940

राज्यात गोंय मुक्ती दीस सुवाळयाची तयारी पूर्ण जाल्ली आसून राज्य पातळीवयलो गोंय मुक्ती दीस सुवाळो फाल्या 19 डिसेंबराक सकाळी 9.15 वरांचेर कांपाल-पणजी हांगाच्या पेवपा तलावालागीच्या गोंय खेळां प्राधिकरणाच्या मैदानाचेर जातलो. गोंय विधानसभेचे सभापती डॉ. प्रमोद सावंत सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी मानवंदना दितले. उपरांत गोंयच्या लोकांक उद्देशून भाशण करतले.

मुक्ती दीस सुवाळयाक मंत्रीमंडळातले वांगडी, विरोधी फुडारी श्री. चंद्रकांत कवळेकर, खासदार, आमदार, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश, ॲडव्होकेट जनरल, स्वातंत्र्य सैनिक, नागरीक आनी विद्यार्थी हजर रावतले. सभापतींचे सुवाळ्याच्या थळार आगमन जालेबरोबर गृहनिर्माणमंत्री श्री.जयेश साळगांवकर, मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा, पुलीस महासंचालक डॉ. मुक्तेश चंदर तांका येवकार दितले.

सुवाळ्यात शाळांची भुरगीं संचलन, देशभक्ती गीतां आनी सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर करतली.

तशेंच मडगावां जिल्हा पातळीचेर गोंय मुक्ती दीस सुवाळो जातलो. नगरनियोजन मंत्री श्री. विजय सरदेसाय हांचे हस्तूकीं तिरंगो बावटो हुबयतले जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळयात भौशीक बांदकाममंत्री श्री. रामकृष्ण ढवळीकर राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

त्याच वांगडा तालुका पातळीचेर म्हापशें हांगा जावपी मुक्ती दीस सुवाळयात महसूलमंत्री श्री. रोहन खंवटे, वास्को हांगा पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, पेडणे हांगा पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, केपे हांगा वीजमंत्री श्री. निलेश काब्राल, सांगे हांगा आमदार श्री. प्रसाद गांवकर, काणकोण हांगा आमदार श्री. इजिदोर फर्नांडिस, दिवचले आमदार श्री. राजेश पाटणेकर, धारबांदोडा आमदार श्री. दिपक पाऊसकर तिरंगो बावटो हुबयतले. तशेंच वाळपय-सत्तरी हांगा मामलेदारा हस्तूकीं तिरंगो बावटो हुबयतले.

गोंय मुक्ती दिसानिमतान राजभवन, पोरणे सचिवालय, पर्वरीचे नवीन सचिवालय, लेखा संचालनालय इमारतीचेर रोशणाय करपाक आयल्या.

सांजवेळा 5.15 वरांचेर राजभवनार येवकार सुवाळो जातलो.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2018/1820